# <u>महिलांनी आप मजत गट स्थापन करचे- विश्वजीत राणे</u>

ता .१४ फेब्रुवारी २०२०

बायलां आनी भुरगीं उदरगत मंत्री श्री. विश्वजीत राणे हांणी महिलांनी आत्मनिर्भर जावपा खातीर आप मजत गट स्थापन करपाचो उलो मारून आप मजत गटांच्या वेवसाय वाडिखातीर बायलां आनी भुरगीं उदरगत खात्याकडल्यान सगळें तरेचे सहकार्य दिवपाचे उतर दिले.

श्री. विश्वजीत राणे काल वाळपय सत्तरीच्या कदंब ऑडिटोरिएमात बायलां आनी भुरगीं उदरगत संचालनालयान गृह आधार येवजणेविशीं जागृती करपाच्या आनी लावधारकांक मंजूरी पत्रां भेटोवपाच्या कार्यक्रमात उलयताले.

वाळपय नगरपालिकेचे नगराध्यक्ष श्री. अख्तर शाह, जिल्हा पंचायत वांगडी श्री. प्रेमनाथ हजारे, सरपंच श्री. पांडुरंग गांवकर, श्रीमती सरस्वती वाडकर आनी हेर पंच वांगडी ह्या वेळार हजर आशिल्ले.

स्वावलंबन येवजणेखाला २९० गटांची स्थापणूक जाल्या आनी वैयक्तिक गटाक ३०,०००/- रूपया वितरीत केल्यात. अशा गटांक आठवडाभराच्या काळात खात्यावतीन एक कोटी रूपया वितरीत करपात येतले, अशें मंत्र्यानी सांगले.

श्री. राणे हांचे हस्तुकीं गृहआधार आनी स्वावलंबन येवजणेच्या मेळून ११०० लावधारकांक मंजूरी पत्रां भेटयली.

सुरवातीक श्रीमती ज्योती देसाय हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. श्रीमती राधिका सातोस्कर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ २०२०/ १४१

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA